## पणजे संवसारीक भलायकी दीस मनयलो

ता. 8 एप्रिल 2025

भलायकी सेवा संचालनालयान काल पणजे मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमात 'संवसारीक भलायकी दीस' मनयलो. भलायकी मंत्री श्री विश्वजित पी. राणे कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे आशिल्लें. ह्या वर्साच्या संवसारीक भलायकी दिसाची संकल्पना 'निरोगी सुरवात, आशादायक भविश्य' अशी आसून ह्या संकल्पनेखाला माता आनी नवजात शिशुंच्या भलायकेचेर भर दिवपी मोहीम वर्सभर चलतली.

ह्या वेळार उलयतना श्री. राणे हांणी सरकारान राज्यांतल्या लोकांच्या भलायकेची काळजी घेवपा खातीर शारी तशेंच ग्रामीण वाठारांनी दर्जेदार भलायकी सुविधां उपलब्ध केल्ल्याचे सांगून भलायकी क्षेत्रांत जलद आनी प्रभावी वेवस्थापनाची गरज आशिल्ल्याचें सांगलें. लोकांक बरी भलायकी सेवा दिवपा खातीर भलायकी सेवा संचालनालयान केल्ल्या प्रयत्नांची भलायकी मंत्र्यान तोखणाय केली.

गोंय वेवस्थापन संस्थेच्यो सहयोगी प्राध्यापक डॉ. खेया मेलो फुर्तादो ह्या कार्यक्रमाक मुखेल उलोवपी म्हूण हाजिर आशिल्ल्यो.

गोंय वैजकी म्हाविद्यालय आनी हॉस्पिटलाचे डीन डॉ. शिवानंद बांदेकर, अन्न आनी वखदां प्रशासन खात्याच्यो संचालक श्रीमती श्वेता एस. देसाय. बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्याचे संचालक मान्युएल बार्रेटो, गोंय दांत म्हाविद्यालयाच्यो डीन डॉ. इडा डी नरोन्हा, नर्सिंग शिक्षण संस्थेचे प्राचार्य (डॉ) विल्सन एन. फर्नांडिस, भलायकी सेवा संचालनालयाच्यो संचालक डॉ. रूपा नाईक, राज्य कुटुंब कल्याण मंडळाचे मुख्य वैजकीय अधिकारी डॉ. उत्तम देसाय, वेगवेगळ्या भलायकी केंद्रांचे वैजकीय अधिकारी, आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

डॉ. खेया हांणी माता आनी नवजात भुरग्यांच्या भलायकेक समर्पित आशिल्ल्या ह्या वर्साच्या संवसारीक भलायकी दिसाच्या संकल्पनेचे म्हत्व सांगतना माता आनी नवजात भुरग्यांची भलायकी सुदारप हे सध्याच्या समाजा खातीरच न्हय जाल्या फुडल्या पिळग्यां खातीर लेगीत म्हत्वाचे आसा, अशें सांगलें.

डॉ. बांदेकर हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

सुरवातीक भलायकी सेवा संचालनालयाच्यो संचालक डॉ. रूपा नाईक हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

डॉ. श्वेता काणेकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले आनी एपिडेमियोलॉजिस्ट डॉ. उत्कर्ष बेतोडकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/329

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.